ऑपरेशन सिंदूर हें राष्ट्रीय प्रगती खातीर आजीवन वचनबद्धतेचें प्रतीक आसा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळां.

२०२४-२५ या आर्थिक वरसात भारतात ८१.०४ अब्ज अमेरिकन डॉलर्सची थेट परकीय गुंतवणूक जाल्या.

अंदूं मानसून  देशभरांत सरासरी परस चड पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगला.

हवामान खात्यान  आज कर्नाटकच्या दर्यादेगेवेल्या वाटारांत, केरळ, माहे, नागालँड, मणिपूर, मिझोरम आणि त्रिपुरात काय सुवातींनी दाट पावसाचो  अदमास उक्तायला.

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सर्तींत काल रातीं  जाल्ले गट फेरयेचे निमाणे मॅचींत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून लखनौ सुपर जायंटसाक  स विकेटींनी हारोवन गुणक्रमवारींत  दुसरी सुवात मेळयली.

PM Gujarat – 85

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां, हालींच्या घडणुकांनी सिद्ध जालां कि भारताविरुद्धचे तथाकथित प्रॉक्सी युद्ध हे खरे तर एक सुनियोजित युद्ध रणनीती आसा. गुजरातांत गांधीनगरांतल्या महात्मा मंदिरांत भौशीक सभेत उलयतना तांणी सांगलें की, 6 मे च्या घडणुकां उपरांत भारताक आतां आतंकवादी कारवायांचे पुरावे दिवपाची गरज ना, आतां हे पुरावे शिमेभायर आशिल्ल्या लोकांनीच दितात.

ऑपरेशन सिंदूर आपल्या मूळ व्याप्ती भायर विस्तार करतले अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. हे राष्ट्रीय प्रगती खातीर आजीवन वचनबद्धतेचें प्रतीक आसा. ऑपरेशन सिंदूर हो फकत लश्करी उपक्रम न्हय तर दरेका भारतीय नागरिकाची जापसालदारकी आसा अशें तांणी सांगलें.

VP MUMBAI VISIT - 25

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड आज एका दिसाच्या मुंबय भेटेर वतले. ह्या भेटी वेळार धनखर मुंबयत आंतरराष्ट्रीय लोकसंख्या विज्ञान संस्थेच्या 65व्या आनी 66व्या दीक्षांत समारंभाचे अध्यक्षपद सांबाळटले.

Commerce FDI – 140

२०२४-२५ या आर्थिक वरसात भारतात ८१.०४ अब्ज अमेरिकन डॉलर्सची थेट परकीय गुंतवणूक (FDI) आयल्या. 2023-24 वित्तीय वर्सा 71.28 अब्ज अमेरिकन डॉलरांतल्यान वेल्यान 14 टक्क्यांनी वाड जाल्ल्याचें तातूंत दिसून येता. 2024-25 या आर्थिक वर्सात सेवा क्षेत्रात सगळ्यांत चड म्हणजे एकूण थेट परदेशी

गुंतवणुकीच्या 19 टक्के इतली गुंतवणूक जाल्या, अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. ताचे उपरांत कॉम्प्युटर सॉफ्टवेअर आनी हार्डवेअर हातूंत 16 टक्के जाल्यार व्यापार हातूंत 8 टक्के गुंतवणूक जाल्या. सेवा क्षेत्रांतली गुंतवणूक फाटल्या वर्सा 6.64 अब्ज अमेरिकी डॉलर आशिल्ली ती अंदूं 40.77 टक्क्यांनी वाडून 9.35 अब्ज अमेरिकी डॉलर इतली जाल्या. भारत उत्पादन क्षेत्रातली थेट परदेशी गुंतवणुकीचे एक मुखेल केंद्र जावपाक लागलां.2023-24 वित्तीय वर्सा 16.12 अब्ज अमेरिकी डॉलर आशिल्ली ही गुंतवणूक 2024-25 वर्सा 18 टक्क्यांनी वाडून 19.04 अब्ज अमेरिकी डॉलर जाल्या.

सरकारान सुरू केल्ल्या गुंतवणूकदारस्नेही थेट परदेशी गुंतवणूक (एफडीआय) धोरणाअंतर्गत 100 टक्के थेट परदेशी गुंतवणुकीखातीर चडशे क्षेत्र उक्ते केल्यात.

Tharoor – 55

शिमे पलतडच्या आतंकवादांत पाकिस्तानाची भुमिका उघड करपा खातीर भारताच्या बहुपक्षीय शिष्टमंडळांनी वेगवेगळ्या देशांमधल्या जागतिक फुडारी, संसद सदस्य, थिंक टँक, मीडिया आणि नागरी समाजा कडेन संवाद साधिलल्यान नवी दिल्लीचो दहशतवादाविरुद्धचो शून्य सहनशीलतेचो संदेश जगभरात प्रतिध्वनीत जाता. काँग्रेसीचे खासदार शशी थरूर हांच्या फुडारपणा खाला भारतीय सर्वपक्षीय शिश्टमंडळ पनामात थँचे सवसदिय अध्यक्ष डाना कास्टानेडा हांचे कडेन बसका घेतली.

President – 35

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी काल नवी दिल्लीत राष्ट्रपती भवनात जाल्ल्या दुसऱ्या नागरी सन्मान सुवाळ्यात ६९ प्रतिष्ठित व्यक्तींक २०२५ वर्सा खातिरचे पद्म पुरस्कार प्रदान केले. यापैकी तिघांक पद्मविभूषण, ९ जणांना पद्मभूषण आणि ५७ जणांना पद्मश्री पुरस्कारान सन्मानित केले.

Monsoon –85

अंदूं मानसून सीजनात देशभरांत सरासरी परस चड पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें भारतीय हवामान खाते (IMD)न सांगला. अंदूं पावस बेगीन सुरू जाला आनी फुडल्या म्हयन्यांत वायव्य भारत, मध्य आनी उदेंत भारता भोंवतणच्या वाठारांनी उश्णतायेच्या ल्हारांचे दीस उणे जावपाची शक्यताय आसा अशेंय हवामान खात्यान सांगलां. नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना पृथ्वी विज्ञान मंत्रालयाचे सचीव एम रविचंद्रन हाणी सांगलें, सामान्या परस चड पावस फकत दक्षिण द्वीपकल्पांत न्हय तर मध्य भारतांतय जावपाची शक्यताय आसा. वायव्य भारतांत सामान्य पावस, जाल्यार ईशान्य भारतांत उणो पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें तांणी सांगलें.

IMD – 80

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आज कर्नाटकच्या दर्यादेगेवेल्या वाटारांत, केरळ, माहे, नागालँड, मणिपूर, मिझोरम आणि त्रिपुरात काय सुवातींनी दाट पावसाचो अदमास उक्तायला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या दोन दिसांक आसाम, मेघालय, कर्नाटकच्या अंतर्गत भागात, कोकण,गोंय, मध्य महाराष्ट्र, ओडिशा, तमिळनाडू पुडुचेरी, कराईकल आनी तेलंगणा हांगाय घोग्यांनी पावस पडपाचो आसा. अस्तंत बंगाल, गुजरात राज्य, झारखंड, उत्तराखंड आनी विदर्भात अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश आनी पंजाबांत  गडगड आनी जोगला मारपा संयत  वादळी वारेंमार पाची शक्यताय आसा अशें खात्यान सांगलां.

Fishery 20

सरकार नुस्तेमारी क्षेत्राच्या उदरगतिक चालना दिवपाक जायत्यो योजना चालिक लायतात. आता आयकात आकाशवाणी पणजीन ह्याच संदर्भात तयार केल्लो मानसी चंदगडकर हाणी धाडिलो हो खास रिपोर्ट **( byte)**

IPL – 75

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सर्तींत काल रातीं लखनौच्या इकाना क्रिकेट स्टेडियमात जाल्ले गट फेरयेचे निमाणे मॅचींत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून लखनौ सुपर जायंटस हांकां स विकेटींनी हारयलो. रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून गुणक्रमवारींत  दुसरी सुवात मेळयली.

पंजाब किंग्स पंजाब किंग्स गुणक्रमवारींत पयल्या सुवातेर आसा. फाल्यां पयले क्वालिफायर मॅचींत रॉयल चॅलेंजर्स आनी पंजाब किंग्स हांचे मदीं खेळ जातलो. तिसऱ्या सुवातेर आशिल्ल्या  गुजरात टायटन्स शुक्रारा एलिमिनेटर मॅचींत मुंबय इंडियन्स आड खेळटलो. आयपीएलाची दुसरी क्वालिफायर मॅच 1 जूनाक आनी फायनल मॅच 3 जूनाक जातली.